## National News – Akashwani Panaji

**17 October 2026** **6.30 p.m.**

नमस्कार, आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

### Supreme Court

इंटरनॅटा वयल्यान भुरग्यांच्या लैंगीक शोशण संबंधी आनी अनुचित साहित्य सोदून काडपा खातीर आनी काडून उडोवपा खातीर तंत्रीक आनी नियामक उपाय घटमूट करपाचो उलो सर्वोच्च न्यायालयान मारला. न्यायाधीश JB Pardiwala आनी KV Chandran हांच्या खंडपिठान सोशल मिडियाचेर अशें अनुचित साहित्य वळखुपाक आनी काडून उडोवपा खातीर एक व्यापक राष्ट्रीय डेटाबेस तयार करपाचो निर्देश दिला .2024 वर्सा दिल्ले निर्देश आसून लेगीत अनुचित साहित्याचें प्रसारण चालू आशिल्ल्यान न्यायालयान हुस्को उक्तायला. फकत तंत्रीक सुरक्षा अपुर्ण आसा ,भुरग्यांक जागृताय आनी सुरक्षीत इंटरनॅट पद्दतीन सज्ज करपाची गरज आसा हाचेर खंडपिठान भर दिलो. तातूंत डिजिटल सुरक्षीतताय आनी पिराये प्रमाण शिक्षण हांचो मुळाव्या अभ्यासक्रमांत आस्पाव करपाचो उलो तांणी मारला.

### PM Cares

PM Cares for Children येवजणे खाला शिश्यवृत्तीचो लाव घेवपा खातीर केंद्रान आधार प्रमाणीकरण वा आधार क्रमांक आशिल्ल्याचो पुरावो गरजेचो केला. समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान हे संबंदी अधिसुचोवणी जारी केल्या. पयल्या वर्गा सावन बारावे मेरेन PM Cares for Children येवजणे खाला खाशेले शिश्यवृत्तीचो लाव घेवपाखातीर आधार प्रमाणीत करूंक नाशिल्ल्या वा आधार क्रमांक दिवंक नाशिल्ल्या खंयच्याच भुरग्याक मजत मेळचीना अशें अधिसुचोवणेंत म्हणलां.

### Special Summary Revision (SSR)

अंदूं 12 नोव्हेंबराक खाशेल्या सारांश सुदारणा खाला वेंचणूक नोंदी मसुदो उजवाडाक येतलो, जाल्यार फुडल्या वर्सा जानेवारीच्या 4 तारखेक निमाणी नोंदी उजवाडाक येतली अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. पात्र नागरिकांक फुडल्या म्हयन्याच्या 12 तारखे सावन 11 डिसेंबर मेरेन हरकत आनी दावे दाखल करपाक मेळटले अशें आयोगान निवेदनांत म्हणलां. 1 एप्रिल 2027, 1 जुलय 2027 वा 1 ऑक्टोबर 2027 ह्या दिसा 18 वर्सां पुराय करपी तरणाट्या नागरिकांक नोंदणी खातीर आदींच अर्ज

करपाक मेळटले जाल्यार मतदारांक, खासा करून स्थलांतरीत, दुबळ्या आनी उपेक्षित लोकांक नोंदणी करपाक मेळची हे खातीर जिल्लो पांवड्यार हेल्प डेस्क स्थापन करतले.

## Air India Cancellation

अस्तंत आशिया वाठारांतल्या परिस्थितीचो विचार करून एअर इंडिया आनी एअर इंडिया एक्सप्रेस कंपनीन Jeddah, Riyadh आनी Dammam वचपाची आनी येवपाची विमान सेवा ह्या म्हयन्याच्या 24 तारखे मेरेन तात्पुरती स्थगीत केल्या. ह्या म्हयन्याच्या 15 तारखेक वा ताचे आदीं जारी केल्ली एअर इंडिया वा एअर इंडिया एक्सप्रेस पुष्टी जाल्ली बुकींग आशिल्लें आनी 9 ते 25 ऑक्टोबर मजगतीं प्रवास तारखो आशिल्ले प्रवाशी फुडल्या म्हयन्याच्या 10 तारखे मेरेन एकदां तारीक बदलपाक पात्र आसात अशें विमान कंपन्यांनी कळीत केला.

## CHENNAI-DEVA PASSED AWAY

म्हालगडो फिल्म संगीतकार आनी दिग्दर्शक Devanesan Chokkalingam आयज चेन्नयांत आयज सावसराक अंतरले. ताची पिराय ७५ वर्सा आशिल्लि. ताका देवा ह्या नांवान लोक वळखताले. तमिळ सिनेमांतले ते एक नामनेचे संगीतकार आशिल्ले आनी लोक गीतांखातीर ताची नामना आशिल्ली.

खेळांत

## Cricket

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी वेस्ट इंडीज पंगडामदल्या पांच खेळांच्या माळेंतलो पांचवो आनी निमाणो टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळ आयज बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमांत सांजवेळा ७ वरांचेर सुरु जातलो. जाल्ल्या ४ खेळांनी दोनूय पंगडांची माळेंत २-२ अशी बोरोबरी आसा. भारत क्रिकेट नियंत्रण मंडळान न्यूझीलंडा आड जावपी एका दिसाच्या आनी कसोटी खेळा माळे खातीर भारतीय दादल्यांचो पंगड जाहीर केला. पयल्या तीन एका दिसाच्या मॅचींनी शुबमन गिल पंगडाचो कॅप्टन आसतलो जाल्यार श्रेयस अय्यर निमाण्या दोन मॅचींनी पंगडाचें फुडारपण करतलो. दोनूय एका दिसाच्या खेळा पंगडांत वरिश्ठ फलंदाज रोहित शर्मा आनी विराट कोहली हांचो आस्पाव आसा. गोलंदाज जसप्रीत बुमराहाक एका दिसाच्या खेळां माळेंतल्यान विसव दिला पूण कसोटी पंगडांत ताजो आस्पाव केला.

## WORLD WRESTLING CHAMPIONSHIP

अमेरिकेंतल्या लास वेगासांत जाल्ल्या 23 वर्सां पिराये सकयल्या संवसारीक कुस्ती सर्तींत भारताची अमृता पुजारी हिणें बायलांच्या 72 किलो वजनाच्या गटांत रुप्या पदक मेळयलां.

हवामानांत

**IMD**

फाल्यां मेरेन तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी व्हडा प्रमाणान पावस पडपाच्या शक्यतायेक लागून भारत हवामान खात्यान orange alert जारी केला. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत कर्नाटक, केरळम आनी माहे ह्या वाठारांनी उटांगाराचो पडपाची शक्यताय आसा. *ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखवले राष्ट्रीय खबरपात्र तुमका आयकुपाक मेळटले फाल्या सकाळी 8 वरा जावन 40 मिनटांचेर. नमस्कार*